**मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं घनकोयर वेवस्थापन विशयावयल्या परिशदेचे उक्तावण**

ता. 7 डिसेंबर 2023

गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळान गोंय राज्य प्रदूशण नियंत्रण मंडळ, साळगांव, बार्देज हांगा आयोजीत तीन दिसांच्या घनकोयर वेवस्थापन विशयावयल्या परिशदेचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं काल उक्तावण जाले. ह्या परिशदेत घनकोयर वेवस्थापन आनी घाणयाऱ्या उदक वेवस्थापनातल्यो आधुनीक साधनसुविधा आनी उपक्रम, कोयर वेवस्थापनातली आव्हांना अशां विशयांचेर देवाणघेवाण जातली. देशाच्या विविध राज्यांतले प्रतिनिधी ह्या परिशदेत सहभागी जाल्यात.

परिशदेच्या उक्तावणाच्या कार्यक्रमात उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी कोयर वेवस्थापन संस्था स्थापन करपाखातीर गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळ, गोवा इन्स्टिट्यूट ऑफ मॅनेजमेंट आनी गोंय लोकप्रशासन आनी ग्रामीण विकास संस्थेमदी समन्वय आनी सहकार्य म्हत्वाचे आशिल्ल्याचे सांगलें. मुख्यमंत्र्यान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्यांच्या स्वच्छ भारत संकल्पनेची तोखणाय करून स्वच्छ भारताचे उद्दीश्ट पूर्ण करपा खातीर कोयर वेवस्थापन आनी विलगीकरण प्रत्येक घरापासून जावपाची गरज उक्तायली.

कोयर वेवस्थापन आनी महसूल मंत्री श्री. आतानासिओ मोन्सेरात हांणी कोयर वेवस्थापना खातीर कोयराचे संकलन, येरादारी, विलगीकरण, पुनर्वापर, विल्हो लावप अशा सर्वसमावेशक प्रक्रियेची गरज व्यक्त करून गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळाच्या कामाची तोखणाय केली. गोंय हे कोयरमुक्त राज्य करपा खातीर ह्या परिशदेच्या माध्यमातल्यान उपाय फुडें येतले, अशी आस्त तांणी उक्तायली.

अणुऊर्जा कमिशनचे आदले अध्यक्ष आनी अणुऊर्जा विभागाचे सचीव डॉ. अनिल काकोडकर हांणी देश कोयरमुक्त करपाचे उद्दीश्ट साध्य करपा खातीर लोकांचो सहभाग आनी सहकार्य म्हत्वाचे आशिल्ल्याचे सांगून कोयर वेवस्थापन आनी विलगीकरणाच्या बाबतीत लोकांच्या मानसिकतेत बदल जावपाची गरज आशिल्ल्याचें सांगलें.

भाभा अणु संशोधन केंद्राचे आदले शास्त्रज्ञ डॉ. शरद काळे हांणी ह्या वेळार कोयर वेवस्थापनातले आपले अणभव सांगलें

गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक डॉ. लेव्हिन्सन मार्टिन्स हांणी सुरवातीक मानेस्तांक येवकार दिलो आनी गोंयांतल्या कोयर वेवस्थापन सुविधा आनी उपायांविशीं म्हायती दिली.

कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन श्री सुजीत डोंगरे हांणी केले जाल्यार गोंय जैवविविधता मंडळाचे वांगडी सचीव श्री प्रदीप सरमुकादम हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/933

--

------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.